**राज्यपालान कॅन्सर आनी डायलिसिस दुयेंतींक अर्थीक मजत भेटयली**

ता. 24 मार्च 2025

मानवतेची सेवा ही ईश्वर सेवा आसा. एक मनीस म्हूण पिडादायक आनी हालाखीची जीण जगपी लोकांक मजत करप हे आमचे कर्तव्य जावन आसा, अशें राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी सांगलें.

राज्यपाल आयज राजभवनार आयोजीत कार्यक्रमात राज्यपाल निधीतल्यान 37 कॅन्सर आनी डायलिसिस दुयेंतीक दर एक 25,000/- ची अर्थीक मजत भेटयल्या उपरांत उलयताले.

गोंयच्या वाठारांनी भोवतना अनेक कॅन्सर आनी डायलिसिस उपचार घेवपी दुयेंतीक मेळ्ळे. उपचार घेतना हे दुयेंतीं वेदनादायक जीण जगतात. तांकां उपचार आनी दिसपट्टे खर्चा खातीर अर्थिक मजतीची गरज जाय आसता. राज्यपाल निधीतल्यान कॅन्सर आनी डायलिसिस दुयेंतीक दिवपात येवपी मजत खुप कमी आसली तरी त्या रक्कमेतल्यान तांकां उपचार घेवपाक मजत मेळटा आनी तशेंच तांकां दुयेंसाचेर मात करपाक आत्मविस्वास मेळटा, अशें राज्यपालान सांगलें.

राज्यपालान गरजू लोकांखातीर समाज सेवा करपी राज्यांतल्या बिगर सरकारी संघटनांच्या कार्याचीय तोखणाय केली आनी अशें कार्य करपी संस्थांक राजभवना वतीन एक लाख रूपया मेरेन अर्थिक मजत दिल्या, अशें तांणी सांगलें.

सुरवातीक राज्यपालाचे सचीव एम. आर. एम. राव हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो.

राज्यपालाचे अतिरिक्त सचीव संजीव गावस आनी लावधारकांचे नातेवाईक ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/271

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.